०४-०४-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुखेलमंत्री - राज्यपाल

मंत्रिमंडळ फेरबदलाची चर्चा सुरू असतनाच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दनपरां राजभवनाचेर राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली. हे भेटीक लागून मंत्रीमंडळ फेरबदल आनी नव्या मंत्र्यांचे सोपूत विधीचे चर्चेक आनीक बळगें मेळ्ळें. वास्तुशिल्पकला, संगीत, फार्मसी आनी फाईन आर्टस महाविद्यालयाचें गोंय विद्यापीठ कॅम्पसांत स्थलांतर जातलें. विद्यापीठाचे कुलपती ह्या नात्यान ह्या विशयाचेर राज्यपालां कडेन मुखेलमंत्र्यांनी चर्चा केल्ल्याची म्हायती सुत्रां कडल्यान मेळ्ळी. वास्तुशिल्पकला महाविद्यालया सयत चार महाविद्यालयांचें विद्यापीठ कॅम्पसांत स्थलांतरण करतले अशी घोशणा मुखेलमंत्रयांनी अर्थसंकल्पांत केल्ली. मुखेलमंत्र्यां कडल्यान भाजप मेळाव्यांत जावपी वक्तव्यां तशेंच भेटींक लागून मंत्रिमंडळ फेरबदल चर्चेक नेट आयला.

मजगतीं, मगोचे अध्यक्ष दीपक ढवळीकार हांणी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांची भेट घेतली. हे भेटींत राजकी स्थितीचेर चर्चा जाल्ल्याची म्हायती दामू नायक हांणी दिली. दिल्लींत मंत्री सुदीन ढवळीकार हांचे सयत राष्ट्रीय सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांची भेट घेतले उपरांत मगो अध्यक्षांनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांची भेट घेतली.

खलप -

2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेपयली बांयलांक 33 % दील्ले राजकी आरक्षण गोंय सरकारान चालीक लावचे. आरक्षण दीवन उपकरना ताचो हक्क प्रत्यक्षान बायलांक मेळपाक जाय अशे महीला काॅग्रेसीची अध्यक्षा प्रतीक्षा खलप हीणे म्हणला.गोयात बायलांचेर जावपी अत्याचारात वाढ जाला,हाका लागुन गोयांतली कायदो आनी सुवेवस्था कशी पेड्यार जाल्या ते स्पश्ट जाता अशे खलप हांणी म्हणला.

काॅग्रेसीन आयज नारी न्याय आंदोलन केले.पणजे काॅग्रेस हावस ते आझाद मैदानामेरेन सरकाराआड आंदोलन करीत तांणी बायलांक सुरक्षा दीवपाक गोॅय सरकार अपयेसी थारला अशे म्हणीत आंदोलन केले.

म्हारगाय वाडल्या,सुशिक्षीत बायलांक नोकरी ना,पर्यटक थळांनी बायलांची सुरक्षा,गोंय पुलीशेचो pink force अकार्यक्षम जाला असो आरोप ह्यावेळार काॅग्रेस महीला मोर्चाच्या वांगड्यानी केला.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गृह मंत्री हांणी बायलांच्या सुरक्षिततायेच्या बाबतीन पावला उबारची अशी मागणी महीला काॅग्रेसीन केला.

विरियाटो फर्नांडीस -

गोंयच्या तियात्रा खातीर युनेस्कोच्या सांस्कृतीक आनी दायज शिलालेखाक मान्यताय दीवची अशी मागणी दक्षीण गोंयचे खासदार खातीर कॅप्टन विरियाटो फर्नांडीस हांणी लोकसभेत उयतना केला. तियात्रा खातीर युनेस्कोच्या शिलालेखाक सुवीधा मेळची म्हूण गोंय सरकार आनी तियात्र समाजाच्या वांगड्याच्या सहकार्यान कृतीदळ स्थापन करचो अशें तांणी म्हणला. तियात्र समाजाक अनुदान, शिश्यवृत्ती, पेन्शन ह्या सारख्यो सुविधा मेळपाक जाय.गोयच्या तीयात्राक 133 वर्साचो इतीहास आसा ,ताका लागुन तियात्रांचे दस्तावेजीकरण जावप गरजेचे आसा अशे तांणी लोकसभेत उलयतना म्हणला.

हे शिवाय गोयात एप्रीलासावन शाळा सुरू करपाचो निर्णय चुकीचो आसुन हो निर्णय सरकारान फाटी घेवचो अशी मागणी करपी निवेदन कॅप्टन विरीयाटो फर्नाडीस हांणी केद्रीय शिक्षण मंत्री धरमेद्र प्रधान हांका दीला .

"सायन्स इन द एक्सट्रीम" -

वास्कोच्या राष्ट्रीय पोलर आनी दर्या संशोधन केंद्रान घडोवन हाडील्ल्या "सायन्स इन द एक्सट्रीम" ह्या खाशेल्या प्रदर्शनाचो लाव राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी घेवंचो अशे आवाहन ह्या केंद्रान केला. फाटल्या २५ वर्साच्या काळात दर्या संशोधन केंद्रान केल्ल्या वावराचो नियाळ ह्या प्रदर्शनात पळोवपाक मेळटलो अशे आयोजकांनी कळीत केला. ह्या आकर्शक प्रदर्शनांत

अंटार्क्टिका, आर्क्टिक, हिमालय, दक्षिण म्हासागर ह्या सारक्या अत्यंत दुर्मिळ वातावरणांतल्या शास्त्रीय संशोधनांचें प्रदर्शन जातलें. हें सगळे विद्यार्थ्यांनी अणभवचे अशे आवाहन जाळवणदारांनी केला. अत्याधुनीक ध्रुवीय आनी दर्या संशोधन दाखोवपी परस्पर संवादात्मक मॉडेल, अंटार्क्टिका अणभवाक एक व्हर्च्युअल रियलिटी शो, भूविज्ञान आनी हवामान अभ्यासाचेर लायव्ह प्रदर्शन अशा वेगवेगळ्या कार्यावळीचो हांतूत आसपाव आसा.

नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च, हेडलँड सडा, वास्को हांगा ४ आनी ५ एप्रिलाक जावपी हे प्रदर्शन दोनूय दीस सकाळी ९ ते सांजे ५ मेरेन सगळ्यांखातीर उक्ते आसतले.

विद्यार्थ्यां खातीर विज्ञान आनी साहसाचे आकर्शण तयार जावंचे खातीर ही एक उत्कृश्ट संद आसा. सरकारी तशेच अनुदानीत शाळांच्या मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक आनी शिक्षकांक हे प्रदर्शन पळोवपाक प्रोत्साहित करचे अशे वास्कोच्या पोलर संशोधन केंद्रान मांगला.

आयपीएल - १००

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल कोलकातातल्या ईडन गार्डन्स मैदानात जाल्ल्या खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक ८० धावंड्यानी हारयले. सनरायझर्स हैदराबाद पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद २०० धावंड्यो केल्यो. वेंकटेश अय्यर हांणे सगळ्यात चड ६०

धावंड्यो केल्यो. अंगक्रिश रघुवंशी हांणे ५० धावंड्यांचे योगदान दिले. उपरांत सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाचो १६.४ षटकांत १२० धावंड्यातूच सोपलो. हेनरिक क्लासेन हांणे ३३ धावंड्यो केल्यो. कोलकाताच्या वैभव अरोरान ३ गडे बाद केले. आयज लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमात लखनौ सुपर जायंट्स आनी मुंबई इंडियन्स पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.